गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी-गोंय

पत्रक

**राज्यपालाकडल्यान गोंय क्रांती दिसाची परबीं**

ता. 17 जून 2019

27 ज्येष्ठ 1941

गोंयच्यो राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयल्या. 18 जूनाक दर वर्सा मनोवपात येवपी हया दिसाक खास म्हत्व आसा. 1946 वर्सा हयाच दिसा गोंयकारांनी पोर्तुगीजाच्या परकीय राजवटीआड उक्तेपणी पूण शांतीकायेन बंड सुरू केले. ते उपरांत मुक्ती चळवळीक अंतिम स्वरूप येवन देशाची गोंय भूंय परकीय राजवटीतल्यान मुक्त जाली.

गोंय मुक्ती चळवळीत साबार स्वातंत्र्य सैनिकांनी जीणेचो त्याग केलो. अनेक स्वातंत्र्य सैनिक हुतात्मे जाले. हजारांनी स्वातंत्र्य सैनिकांक हाल सोसचे पडले, तडीपार जावचे पडले. 18 जून 1946 दिसा देशातले एक म्हान स्वातंत्र्य सैनिक डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी मडगावच्या लोहिया मैदानावयल्यान मारिल्ल्या उल्यान गोंयच्या लोकांक पोर्तुगीजाच्या जुलमी राजवटीआड लडपाची प्रेरणा मेळ्ळी आनी आमच्या मायभुंयेचो हो भाग परकीय राजवटीतल्यान मुक्त जावपाक पावलो.

हया प्रसंगार हांव हुतात्मे आनी स्वातंत्र्य सैनिकांक म्हजी आर्गां ओपता.

मा/वाप/एनजी/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/328